**ब्रुसेलोसिस लसीकरण कार्यक्रमाक सुरूवात**

ता. 12 सप्टेंबर 2023

जनावरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्यान भारत सरकाराच्या “राष्ट्रीय जनावरां रोग नियंत्रण कार्यक्रमाखाला ब्रुसेलोसिस लसीकरण कार्यक्रमाक 12 सप्टेंबराच्यान सुरूवात केल्या आनी हो कार्यक्रम 11 ऑक्टोबर 2023 मेरेन राज्यभर चलतलो.

हेडगीं जनावरांसयत सगळ्यों गायों आनी म्हशींच्या 4 ते 8 म्हयन्यांच्या सगळ्या मादी वासरांक लसीकरण करपाखातीर सगळें यत्न आसतले. लसीकरणा उपरांत निवडक गावांतल्यान सेरा नमुने एकटाय करून वासरांची रोगप्रतिकार शक्त स्थितीची तपासणी जातली. तशेंच लसीकरण केल्ल्या जनावरांक वळखपाखातीर तांच्या कानाक टॅग लायतले.

दुदाच्या उत्पादनाचेर वायट परिणाम करपी ब्रुसेला रोगाचे निर्मूलन करपा खातीर दुद शेतकारांनी आपल्यो गायों आनी म्हशींच्या वासरांचे लसीकरण करपाक जनावरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करचे, अशें खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/713

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.